Aakashvani Panaji Regional bulletin 7.25 am 22nd November 2025

Cm 94

गोंयचे मुख्यमंत्री dr प्रमोद सावंत लंडनांत जावपी QS युथ इम्पॅक्ट समिट 2025 हातूंत गोंयचें प्रतिनिधित्व करपा खातीर पॅक्ट फावंडेशन स्कॉलर प्रोग्रामा खाला वेंचून काडिल्ल्या तीन विद्यार्थ्यांची भेट घेतली . महालक्ष्मी, आल्तिन्हो हांगा जाल्ल्या संवादांत तरणाट्यांच्या फुडारपणाक आनी शाश्वतपणाच्या उपक्रमांक सरकारान दिल्ल्या आदाराचेर भर दिलो. मुख्यमंत्र्यांनी विद्वानांक परबीं दिवन जागतीक उत्तम पद्दती शिकून गोंयचे उदरगती खातीर अभिनव विचार परत हाडपाचो उलो मारलो.सुमैया खान, आंद्रेया कार्दोसो आनी रायसा मॅरिएट पिंटो हे वेंचून काडिल्ले विद्यार्थी आसात. पॅक्ट फावंडेशनाचे संस्थापक dr अश्विन फर्नांडीस हांणी राज्यभरांतल्या युवा सशक्तीकरणाच्या उपक्रमां विशीं आनी चालू आशिल्ल्या शिक्षणीक प्रकल्पां विशीं मुख्यमंत्र्याक म्हायती दिली.

गोलमेज 30

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान गोयात डोना पॉला हांगा ५६ व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या निमित्तान चित्रपट आणि डिजिटल सामग्री सह-निर्मिती या विषयार गोलमेज परिषद आयोजित केली. राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन यांनी या मेळाव्यात उलोवप केले

इफ्फी 90

भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या ५६ वी आवृत्ती, इफ्फी चो आज दुसरो दिस . माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन आणि माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाचे सचिव संजय जाजू यांच्या हस्तुकी  पणजी गोयात कला अकादमीत या बहुप्रतिक्षित मास्टरक्लासचे उक्तावण केले. byte MURUGAN IFFI WOMEN

फामाद चित्रपट निर्माता मुझफ्फर अली उक्तावणा वेळार आशिल्ले . मुझफ्फर अली हांणी इफ्फी २०२५ चो पयलो मास्टर क्लास घेतलो. byte MUZFFAR AL I

SIR 87

गोंयच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान नागरिकांक गणना फॉर्म सादर करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर एसआयआर 2026 रील सर्त जाहीर केल्या. सहभागी ह्या उपक्रमाची प्रचार करपी 60 ते 90 सेकंदांचो इंस्टाग्राम रील तयार करूंक शकतात आनी सीईओ गोवा हँडल टॅग करून पोस्ट करूंक शकतात. रील  डीएम वरवीं धाडचो पडटलो, आनी नोंदी फकत भौशीक खात्यांतल्यान 25 नोव्हेंबर 2025 मेरेन उक्ती आसात. ₹10,000, ₹5,000 आनी ₹3,000 रोख इनामां दितात, तशेंच दोन प्रोत्साहन दिवपी  पुरस्कारय आसात. राज्यांत मतदारांचे सहभाग घटमूट करपा खातीर सृजनशीलताय आनी सोशल मिडियाचो उपेग करपाचो हे मोहिमेचो  हेतू आसा.

IFFI 180

IFFI 2025 त २०० परस चड चित्रपट दाखयतले, जे संवसारभर भारताच्या वाडट्या सिनेमॅटिक प्रभावाचे प्रतीक आसा अशें, डॉ. एल. मुरुगन हाणी आपल्या उक्तावणाच्या उलोवपांत सांगले.   ह्या वर्सा मास्टरक्लासचे उक्तावण पयलेच खेपे सर्वसामान्य

जनतेच्या उपस्थितीत जाले. मास्टरक्लासात ऑस्ट्रेलिया, जपान, जर्मनी आनी कॅनडा थावन प्रतिनिधीनी सहभाग घेतला, सिनेमॅटिक सहकार्य आनी प्रतिभेचो दिवप - घेवप करपा खातीर आंतरराष्ट्रीय मंच म्हूण ह्या महोत्सवाची सुवात आनीक घटमूट जाल्या. हो महोत्सव विकसीत भारताच्या प्रवासाक अनुरूप आसा आनी संवसारीक पांवड्यार सृजनशीलतेचो विस्तार करपाच्या भारताच्या महत्त्वाकांक्षेची परतून पुष्टी करता, अशे तांणी म्हळें. तशेंच महिला चित्रपट निर्मात्यांचो सहभाग आनी योगदान हांचेर तांणी भर दिलो. अंदूं महिलांनी दिग्दर्शीत केल्ले 50 चित्रपट प्रदर्शीत जातले अशे तांणी नमूद केले.

रश्मी 60

iffi च्या goa section चे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.गोयात जावपी कोंकणी आनी मराठी सिनेमांखातीर गोंय सरकार नवी film finance scheme उजवाडाक हाडटले अशी घोशणा ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला.

IMD

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.